# <u>मतमेजणी दिसा दक्षिण गोंयात येरादारीची वेवस्था</u>

ता. 3 मार्च 2017

दक्षिण गोंयातल्या विधानसभा मतदारसंघांची मतमेजणी ता. 11 मार्च दिसा सकाळी 8.00 वरांसावन सरकारी वाणिज्य महाविद्यालय, बोर्डा-मडगाव हांगा जातली. मतमेजणीच्या दिसा बोर्डा वाठारात येरादारीची गर्दी जावची न्हय आनी सुरळीत येरादारी जावची म्हुण येरादारी पुलीस यंत्रणेन खास वेवस्था केल्या.

सरकारी वाणिज्य महाविद्यालयावटेनच्या बोरडेश्वर राखणदेव मेरेनच्या रस्त्याचेर आनी आयटीआयच्या पार्किंग सुवातेर वेंचणूक निरीक्षक जिल्होधिकारी आनी जिल्हो वेंचणूक अधिका-यांच्या वाहनांखातीर पार्किंग वेवस्था आसतली. थळावे नागरीक सोडून हेर वाहनांखातीर हो रस्तो बंद आसतलो.

निर्वाचन अधिकारी, पुलीस, सरकारी वाहनां आनी सरकारी कर्मचा-यांच्या वाहनांखातीर वाणिज्य महाविद्यालयाच्या फाटल्या उक्त्या मैदानाचेर पार्किंग वेवस्था आसतली आनी हया वाहनांक मैदानावटेनच्या मुख्य गेटीतल्यान प्रवेश आसतलो. मल्टिपर्पज हायस्कूलासामकारच्या मोकळया मैदानाचेर वाहनांक पार्किंग आसचे ना.

उमेदवारांची वाहनां उमेदवाराक मतमोजणी केंद्रामेरेन सोडटली आनी इस्टर्न बायपासाकडल्या रस्त्याचेर पार्क करतली. तशेंच उमेदवारांची आनी कार्यकर्त्यांची हेर वाहनां इस्टर्न बायपासाकडल्या रस्त्याचेर पार्क करतली.

वेंचणूकेच्या कामावयली वाहनां सोडून हेर वाहनांखातीर इरीक सिल्याचे घर ते आगाळी जंक्शन घोगळ (सेंट सेबेस्त्यांव चॅपेलालागी) मेरेनचो सगळो रस्तो येरादारीक बंद आसतलो. वाहनां रविंद्र भवन, फातोर्डा, आर्ले, इस्टर्न बायपास, घोगळ सर्कलमार्गान येरादारी करतली. घोगळ जंक्शन ते इरीक सिल्वा घरामेरेनच्या मुख्य रस्त्याचेर वाहनांक पार्किंग आसचे ना. येरादारीचेर नियंत्रण दवरपाखातीर येरादारी पुलीस रस्त्याचेर आसतले.